## सरकार लोकांक दर्जेदार सुविधा दिवपाक कटीबध्द आसा : शिरोडकार

ता. 10 ऑक्टोबर 2024

लोकांक दर्जेदार मुळाव्यो सुविधा उपलब्ध करून दिवपाक आनी सगळीं नियोजीत उदरगतीची कामां पुर्ण करपाक सरकार कटीबध्द आसा, अशें उदकास्त्रोत मंत्री श्री सुभाष शिरोडकार हांणी आयज हळदोणा मतदारसंघातल्या ग्रांदे कोइंबा वाडो हांगाच्या तळयेचे 18.8 लाख रुपया खर्च करून पूर्ण केल्ल्या दुरूस्ती आनी सुशोभिकरण कामाचे उक्तावण केले उपरांत उलयतना सांगलें.

फुडें उलयतना श्री. शिरोडकार हांणी सांगलें, सरकार कसलोच भेदभाव करीनासतना राज्यांतल्या सगळ्या वाठारांनी उदरगतीची कामां करता. हळदोणा कोमुनिदादीच्या वांगड्यांच्या सहकार्याक लागून तळयेची सुदारणा करपाचे काम पुर्ण जावपाक शकले आनी त्या खातीर हांव कोमुनिदाद वांगड्यांचे अभिनंदन करता, अशें तांणी म्हणलें.

राज्यांतल्या शेतकारांच्या फायद्या खातीर उदकास्त्रोत खात्यावतीन अनेक उदका पुरवण प्रकल्प हातांत घेवपात येता. शेतकारांक आपल्या पिकावळी खातीर चोवीस तास उदका पुरवण करप हो सरकारचो हेत आसा आनी त्या खातीर सरकारान 2047 मेरेन राज्यांत अखंड उदका पुरवण करपाचे धोरण निश्चित केला. हे उद्दीश्ट प्रत्यक्षात हाडपाच्या दिश्टीन अंजुना आनी साळावली धरणांच्या खारजांच्या विकासा खातीर केंद्र सरकारा कडल्यान सुमार 300 कोटी रूपयांचो निधी मेळोवपाची येवजण राज्य सरकारान तयार केल्ली आसा, अशें उदकास्त्रोत मंत्र्यान सांगलें.

तशेंच तांणी हळदोणा मतदारसंघाच्या विकासा खातीर आमदार ॲड कार्लोस अल्वारिस फरेरा हांणी केल्ल्या प्रयत्नांची तोखणाय करून दुरूस्ती केल्ल्या तळयेच्या सरभोंवतणी बसपाची वेवस्था, रोशणाय आनी हेर सुशोभीकरणाची कामां करपा खातीर पावलां उबारपाक डब्लूआरडीच्या अधिकाऱ्यांक सांगलें.

आमदार ॲड. कार्लोस फरेरा हांणी तळयेचे दुरूस्ती काम पुर्ण केल्ले खातीर उदकास्त्रोत मंत्री आनी अधिकाऱ्यांचे उपकार मानले

सरपंच श्री अश्विन डिसौजा, उपसरपंच श्रीमती अधिज्ञा सातार्डेकर, पंच श्रीमती नातालीन कुलासो, श्री सुभाष राव, श्री प्रणेश नाईक, श्री सेबी फर्नांडिस आनी नागरीक ह्या वेळार उपस्थित आशिल्लें.

श्री दिलीप हळदणकर हांणी कार्यक्रमाचे सूत्रसंचालन केले.
म्हा /सप/ / विगां/ 2024/563

--
---------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.